# इफ्फी महोत्सव काळात  येरादारीची वेवस्था

ता. 15 नोव्हेंबर 2024

गोंयांत 20 ते 28 नोव्हेंबर 2024 मेरेन 55 व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचे आयोजन जातले. इफ्फी चो उक्तावण सुवाळो आनी समारोप सुवाळो ताळगांव पठारावयल्या डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमात जातलो. उत्सवाच्या काळात वाहनांची येरादारी सुरळीत जावचे खातीर येरादारीची वेवस्था केल्या. 20 नोव्हेंबराक इफ्फीच्या उक्तावण सुवाळ्याक आनी 28 नोव्हेंबराक समारोप सुवाळ्याक  डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमात हजर रावपी आनी उत्तर आनी दक्षीण गोंयांतल्यान (पणजी सोडून) येवपी लोकांनी एनएच 66 वयल्यान येवन बांबोळे जीएमसी कडेन पावले उपरांत गोंय विद्यापिठ रस्त्यान सुवाळ्याच्या थळार येवचे. पणजे सावन येवप्यांनी ताळगांव वा दोनापावला रस्त्यान येवचे.

तशेंच आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या फांटभूंयेर आयनॉक्स लेन (जर्नल बॅर्नार्ड गुएडेस रस्तो) म्हळ्यार आयनॉक्स संकुलां वटेंतलो पणजी मार्केट ते डी.बी.बी. मार्ग मेरेन वचपी रस्तो 9 दीस मेरेन सगळ्या प्रकारच्या वाहनां खातीर तात्पुरतो बंद आसतलो.

आयनॉक्स पार्किंग जागे खातीर ईएसजी वतीन पास जारी करतले. भलायकी सेवा संचालनालय, कला अकादमी आनी एसएजी मैदानाचेर पार्किंग वेवस्था आसतली.

म्हा /सप/    / विगां/ 2024/649

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.